# छत्रपती शिवाजी महाराज जयंतीनिमतान विद्यार्थ्यांखातीर अभिनय सर्त

ता. 1 फेब्रूवारी 2018

12 माघ 1939

गोंय सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान छत्रपती शिवाजी महाराजांचे 'जीवन आनी कार्य' ह्या विशयाचेर विद्यार्थ्यांखातीर राज्य पातळीचेर अभिनयासयत संवाद उलोवपाची सर्त आयोजीत केल्या.

छत्रपती शिवाजी महाराज जयंतीनिमतान ता. 19 फेब्रुवारी 2018 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर फार्मागुडीवयल्या गणपती देवळाच्या प्राकारात ही सर्त आयोजित करतले. ही सर्त इयत्ता 5 वी ते 10 वी आनी इयत्ता 11 वी आनी 12 वी अशा दोन गटात घेतले आनी सर्तीत आपलो अभिनय सादर करपाक स्पर्धकांक चडात चड तीन मिनटांचो वेळ आसतलो.

सर्तीत वाटो घेवपाक स्पर्धकांनी आगावू नावनोंदणी करप आवश्यक आसा. सर्तीच्या जैतवंताक रोख इनामा दितले. तशेंच सर्तीत वाटो घेवपी प्रत्येक स्पर्धकांक प्रवास खर्च म्हुण 200/- रूपया दितलें.

ह्या सर्तीत वाटो घेवपाखातीर इत्सूक स्पर्धकांनी वा शाळांच्या मुखेल्यांनी 9422444624 नंबराचेर व्हॉटसअॅप धाडून नांवनोंदणी करची. तशेंच चड म्हायतीखातीर श्री. श्याम गांवकर हांचेकडेन वयल्या नंबराचेर संपर्क करचो.